# बाणस्तारी अंडरपास रस्त्याचें उक्तावण

ता. 5 डिसेंबर 2017
14 मार्गशीष 1939

भौशीक बांदकाममंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर हांणी आयज बाणस्तारी जक्शनार रू. 11 कोटी खर्चून बांदलेल्या अंडरपास रस्त्याचे कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांच्या उपस्थितीत उक्तावण केले.

श्री ढवळीकर हांणी ह्या वेळार उलयताना बाणस्तारी जक्शनावयल्या अंडरपासाचे काम पूर्ण जाल्ल्यान माशेल वटेच्यान यो-वच करपी येरादारी सुरळीत जातली अशें सांगलें. केंद्र सरकारान राज्यातल्या राष्ट्रीय महामार्ग-17 च्या विकासाखातीर रू. 2800कोटी मंजूर केल्ले आसून पत्रादेवी ते पणजी आनी पणजी ते बांबोळी महामार्गाचे काम नेटान चालू आसा, अशेंय भौशीक बांदकाम मंत्र्यान सांगलें.

कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी साधनसुविधांच्या विकासाखातीर लोकांनी सहकार्य करपाची मागणी करून लोकांक रस्ते, उदका पूरवण आनी हेर मुलभूत सुविधा उपलब्ध करपाचेर सरकारान भर दिल्लो आसा, अशें सांगले.

भोमा-अडकोणाचे सरपंच श्री. सुनिल भोमकर, पंच श्री. दामोदर नाईक, विश्वजीत नाईक आनी भौशीक बांदकाम खात्याचे अधिकारी ह्यावेळार हजर आशिल्ले.